# <u>मुख्यमंत्र्याकडल्यान गोंयच्या लोकांक स्वातंत्र्य दिसाची परबीं</u>

ता. 14 ऑगस्ट 2025

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी भारताच्या 79 व्या स्वातंत्र्य दिसानिमतान गोंयच्या लोकांक उर्बेभरीत परबीं भेटयल्या आनी आमच्या देशाच्या स्वातंत्र्या खातीर आपल्या जीणेचो त्याग केल्ल्या स्वातंत्र्य सैनिकांक आर्गां ओपल्यात.

1947 वर्सा ह्याच दिसा भारताक परकीय सत्तेपासून स्वातंत्र्य मेळ्ळे. आमच्या स्वातंत्र्य सैनिकांच्या म्हान त्यागाचो उगडास करतना तांणी आमच्या देशाक परकीय राजवटीतल्यान मुक्त करपा खातीर राष्ट्रभक्तीच्या भावनेतल्यान केल्ल्या अथक प्रयत्नांक नमन करूया, अशें मुख्यमंत्री म्हणटा.

मुख्यमंत्री आपल्या संदेशात म्हणटा, स्वातंत्र्या उपरांत आमच्या देशान सगळ्यां मळाचेर नेटान प्रगती केल्या आनी आयज भारत नेटान प्रगती करपी देश जाला. गोंय राज्यानय मुक्ती उपरांत विविध क्षेत्रांत तोखणायेची उदरगत करून देशाच्या विकासाक म्हत्वाचे योगदान दिला. राज्याचो सर्वांगी विकास करून राष्ट्राच्या उबारणीक योगदान दिवपा खातीर आमचे यत्न चालू आसात. राज्य सरकारान जनतेच्या सहकार्यान आस्पावीत विकासाचेर भर दिल्लो आसा.

गोंयांक स्वयंपूर्ण राज्य करून आत्मनिर्भर- विकसीत भारताचे व्हिजन साकार करपाक योगदान दिवपा खातीर सरकार प्रयत्न करता. सरकारान लोकांच्या कल्याणा खातीर साबार येवजणो चालीक लायल्या. गोंय राज्य तशेंच देशाच्या भरभराटी खातीर सरकार वावर करता.

आयच्या ह्या स्वातंत्र्य दिसाच्या प्रसंगार आमच्या भारत देशाच्या स्वातंत्र्या खातीर आपल्या जीणेचो त्याग केल्ल्या समस्त ज्ञात-अज्ञात शुर-विरांक आमी नमन करूया आनी राज्य आनी देशाच्या विकासा खातीर एकवटान काम करपाक कटीबद्द जावया, अशें मुख्यमंत्री आपल्या संदेशात म्हणटा.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/693

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.